# नाविकांक कळोवणी

ता. 16 फेब्रूवारी 2018
27 माघ 1939

सांतिनेज हांगाचे जलतरण प्रशिक्षक आफ्रा शेख हांणी आपल्या विद्यार्थ्यांखातीर आयतार ता. 18 फेब्रुवारी 2018 दिसा सकाळी 7.30 वरासावन मांडवी न्हंयत रायबंदर ते दिवाडी अशी पेंवपा सर्त आयोजित केल्या.

ते खातीर वयल्या काळात बार्जी, लाँची, फेरी बोटी, नुस्तेमारी बोटी, पर्यटक बोटी आनी हेर नाविकांनी मांडवी न्हंयच्या वयल्या वाठारातल्यान जलवाहतूक करतना पळोवन, सवकासायेन योग्य खबरदारी घेवन वाहतूक करची. तशेंच गस्त बोटीकडल्यान मेळपी आदेशाक पाळो दिवन गरजेप्रमाण सुरक्षित अंतराचेर थांबचे, अशें कॅप्टन ऑफ पोटर्स खात्यान कळीत केल्या.